१३/०१/२०२५ @ ७. २०

ह्यो आसात काय मुखेल खबरो

- स्वतच्या नेतृत्वगुणांक ओळखात,तुमचेभितर आशिल्य्या ह्या सुप्तगुणांचो विकास करात आनी तुमचो फुडार परजळीत करात अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी विद्यार्थ्यांक केला.
- केंद्रीय खेळा मंत्रालय आनी भारतीय खेळ प्राधिकारणाच्या जोडपालवान आयज सकाळी पणजे मिरामार दर्यादेग वाठाराचेर Fit India yoga ह्या खासा कार्यावळीचे आयोजन केल्ले.
- केंद्रीय संचारण ब्युरो गोंय हाणी आज पणजी बस स्टँडाचेर राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान एक दीस युवा संवाद आनी जागृताय दीस घडोवन हाडली.
- अनुसूचीतजमातीतल्या(एसटी) विद्यार्थ्यक अर्थीक मजत दिवपा खातीर गगन भरारी शिक्षण येवजणेखातीर अर्ज मागायल्यात

Rashmi /DIP 200

स्वतच्या नेतृत्वगुणांक ओळखात,तुमचेभितर आशिल्य्या ह्या सुप्तगुणांचो विकास करात आनी तुमचो फुडार परजळीत करात अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी विद्यार्थ्यांक केला. ते youth leader conclave कार्यावळीत विकसित भारत ,विकसित गोवा ह्या संकल्पनेचेर मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

राजकीय,सामाजीक,अर्थिक,सांस्कृतीक तशेंच समाजातल्या वेगवेगळ्या मळार आयज नेतृत्व करपी मनशांची गरज आसा,तुमच्या सारखे तरनाटे हीच देशाची खरी संपत्ती,ताका लागुन ह्या मळाचेर नेतृत्व करून विकसीत भारताचे फुडारी तुमच्यातल्यान घडपाक जाय अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला. 12 जानेराक स्वामी विवेकानंद हांची जयंती जाली.ह्या जयंतीच्या फांटभुयेर गोय विद्यापिठन गोयातल्या साबार महाविद्यालयाच्या जोडपालवान मुखेलमंत्र्यावांगडा विद्यार्थ्यांक मुक्त संवाद करपी खासा कार्यावळीचे पणजे दोनापावला राज भवनाच्या सभाघरात आयोजन केले. कार्यावळीक मानाचे सोयरे म्हण अखिल भारतीय विद्यार्थी परीशदेचे राश्टीय सरचिटणीस विरेंद्र सोलंकी हाजीर आशील्ले. डॉ. वीरेंद्रसिंग सोळंकी हांणी उपस्थितांक संबोधित करतना युवकांमदीं नेतृत्वगुण विकसित करपा खातीर विद्यार्थी संघटनांच्यो वेंचणूको म्हत्वाच्यो आशिल्ल्याचेंआशिल्ल्याचेंसांगलें,जेवरवीं विद्यार्थ्यांच्या नेतृत्वाक चालना मेळटा. विकसित भारत 2047चें स्वप्न साकार करपा खातीर विद्यार्थी संघटनांच्यो वेंचणूको म्हत्त्वाच्यो आसा.

डॉ. सोळंकी हांणी प्रत्येकान स्वामी विवेकानंदांची शिकवण आनी विचारांचे आचरण करून वैयक्तिक विकास करपाची गरज उक्तायली.

कार्यक्रमाक उच्च शिक्षण संचालनालयाचे संचालक डॉ.भूषण सावईकर, गोंय विद्यापीठ विद्यार्थी मंडळाचे अध्यक्ष विनय राऊत, सचीव अंशुल सिनारी, विद्यार्थी आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

सुरवातीक गोंय विद्यापीठ विद्यार्थी मंडळाचे अध्यक्ष विनय राऊत हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. सिया कामत हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

Ganesh 160

गोंय आनी कोंकणी सांबाळपा खातीर मनोहरराय सरदेसायचें योगदान उपाट आशिल्लें, अशें राजभास खात्याचे संचालक प्रशांत शिरोडकार हांणी सांगलें.उगते मळब संस्थेन इन्स्टिट्यूट मेनेझीस ब्रागांझा हांच्या जोड पालवान लोककवी सर्गेस्त मनोहराय सरदेसाय हाच्या सन्मानार्थ “पिसोळीं महोत्सव” कार्यावळ घडोवन हाडली . इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा, गोवा कोंकणी अकादेमी आनी राजभास विभाग हाणी आयोजित केल्ल्या कार्यावळीचें उक्तावण राजभास संचालक प्रशांत शिरोडकार हांचे हस्तुकी जाले.कविता वाचन, अल्पक्षरी

वाचन, उपरांत मनोहर सरदेसाईचेर कॉलेजींतल्या विद्यार्थ्यां खातीर क्विझ सर्त, गोवा कॉलेज ऑफ मनोहर सरदेसायच्या गितांचेर संगीत कार्यावळ आनी भोवमानाची कार्यावळ जाली.हे वेळार उलयताना प्रशांत शिरोडकार हांणी उगते मोळब संघटनेची ही कार्यावळ घडोवन हाडपा खातीर केल्ल्या उपक्रमाची तोखणाय केली. गोंय आनी कोंकणी तिगोवन दवरपा खातीर मनोहर सरदेसाईचें योगदान उपाट आसा अशें तांणी सांगलें.मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेचे वांगडी सचीव अशोक परब हांचे सर्गेस्त मनोहर सरदेसायांचेर उलप जाले. समारोप सुवाळ्यांत इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझाचे अध्यक्ष दशरथ परब हांणी साहित्य अकादेमी पुरस्कार मेळोवपी मुकेश थळी हांचो भोवमान केलो. म्हापशेच्या सेंट झेवियर्स म्हाविद्यालयाची प्राध्यापिका डॉ. रमीता गूरव हांचे सर्गेस्त मनोहरराय सरदेसाय हांच्या जिविताचेर आनी वावराचेर भाशण जालें.

Rashmi / DIP 170

केंद्रीय खेळा मंत्रालय आनी भारतीय खेळ प्राधिकारणाच्या जोडपालवान आयज सकाळी पणजे मिरामार दर्यादेग वाठाराचेर Fit India yoga ह्या खासा कार्यावळीचे आयोजन केल्ले.बरी भलायकी,मानसिक शांतीकायआनी निरोगी जीण हे सगळे योगा केल्यार शक्य आसा,ताका लागुन योगासना शिकोवपाच्या हेतान ह्या कार्यावळीचे आयोजन केल्ले.ह्या कार्यावळीत विद्यार्थी तशेच योगा मोगी नागरीकांनी वाटो घेतिल्लो. कार्यावळीतल्या प्रशिक्षित योगा अभ्यासकांनी वेगवगळी योगाची आसनांची प्रात्याक्षिका करून कार्यावळीत वाटो घेतिल्ल्यांक मार्गदर्शन केले. स्वस्थ भारत ह्या केंद्र सरकाराच्या मोहीमेअंर्तगत योगाची ही कार्यावळ आयज मिरामार जाली.कार्यावळीक उपाट प्रतिसाद मेळलो. ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हण IRS पांडुरंग चाटे जाल्यार मानाची सोयरी म्हण गोंय खेळा प्राधिकारणाची संचालक गीता नागवेकार,fit india ची नोडल अधिकारी अपुर्वा मंडा, आनी सुमीत MR हाजीर आशील्ले.

निरोगी मनीस म्हणजे निरोगी कुटुंब आनी शेवटी निरोगी समाज घडटा, अशें भारतीय क्रीडा प्राधिकरणाच्या महाराष्ट्र आनी गोंय विभागाचे प्रादेशिक संचालक पांडुरंग चाटे हांणी सांगलें.

प्रत्येक मनशान व्यायाम, योग, ध्यान,चलप, सायकलिंग, एरोबिक्स नाच, मार्शल आर्ट्स ह्या सारख्यो तंदुरूस्तीच्यो क्रिया सदाच कमीत कमी एक तास करपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

चाटे हांणी तंदुरुस्ती शारीरिक व्यायामाविशीं जागरूकताय आनी प्रत्येकशाळा, महाविद्यालय, विद्यापीठ, पंचायत/गावानी फिटनेस कार्यक्रम आयोजीत करपाची गरज व्यक्त केली.

DIP 170

देहराडून उत्तराखंड हांगाच्या राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयांत इयत्ता 8 वीच्या वर्ग प्रवेशाखातीर खंयच्याय मान्यताप्राप्त शाळेत इयत्ता 7 वीच्या वर्गात शिकपी वा इयत्ता 7 वी उत्तीर्ण चलें आनी चली विद्यार्थ्यांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. प्रवेश परीक्षा संबंदीत राज्यांतल्या निवडक केंद्रांचेर आयतार ता. 1 जून 2025 दिसा जातली. प्रवेश परीक्षेखातीर उमेदवारांची पिराय साडे अकरा वर्सां ते तेरा वर्सां मजगती आसपाक जाय, म्हणजे उमेदवाराचो जल्म 2 जानेवारी 2013 पयली आनी 1 जुलय 2014 उपरांत जाल्लो आसपाक जायना.

गणीत, सर्वसामान्य ज्ञान आनी इंग्लिश विशयाची लेखी परीक्षा जातली. तोंडी परीक्षेची तारीख आनी वेळ उपरांत कळयतले. परीक्षेचो निकाल राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाच्या www.rimc.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर अपलोड करतले. सध्या वर्सुकीं शुल्क सर्वसामान्य वर्गांखातीर 148650/- रूपया आनी एससी/एसटी उमेदवारांखातीर 131850/- रूपया आसा जी वाडपाक शकता. प्रवेशा वेळार 50,000/- रूपया सुरक्षा ठेव भरपाक जाय जी छात्र महाविद्यालयातल्यान पदवीधर जाल्या उपरांत परत करतले. अर्ज, दोन पासपोर्ट आकाराची छायाचित्र, उमेदवाराचो राबीतो दाखलो, जल्म दाखलो, एससी/एसटी दाखलो, छायाचित्रासयत जल्म तारीख आनी शिकपी वर्गाची प्रमाणीत म्हायती दिवपी शाळा मुख्याद्यापकांचो दाखलो, आधार कार्डाची फोटोकॉपी दाखल्यासयत संबंदीत राज्य सरकाराकडेन ता. 31 मार्च मेरेन अर्ज राष्ट्रीय भारतीय लश्कर महाविद्यालयाक पावपाक जाय.

Rajesh 80

साहित्याच्या मळार तरणाट्यांक मुखार हाडपा खातीर शिक्षक आनी पालकानी योग्य रस्तो दाखोवपाची गरज आसा . अशे जाले तर साहित्यिक व्हड प्रमाणात घडपाक मजत जातली' अशे मत साहित्यिक राजेंद्र केरकर हाणी उक्तायले. गोमंतक मराठी अकादमी आनी डिवचलच्या शांतादुर्गा हायर सेकेंडरी हांच्या जोड पालवान दिवचले हांगा आयोजीत मराठी युवा साहित्य संमेलनात मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. हे वेळार तांचे वांगडा गोमंतक मराठी अकादमीचे अध्यक्ष अनिल सामंत, विध्यावर्धक मंडळाचे अध्यक्ष विजय सरदेसाई , प्राचार्य अनिता अगरवाडेकार हजर आशिल्ले.. या सुवा संमेलनात कविसंमेलन, परिसवांद आनी चर्चासत्रांचे आयोजन केल्ले

Rajesh 60

दिवचल म्हालांत विंगड निगड सुवातानी' धालोत्सव पारंपारिक पद्धतीन मनोवप चालू आसा. दिवचल म्हालांत साखळी नावेली वजरी, हरवळे , कारपूर, मये ,नार्वे, पिळगाव, वन-मावलिंगे , मुळगाव, विठ्ठलापुर या सुवातानी धालोत्सव विंगड विंगड कार्यावळीनी मनोवप चालू आसा. धालोगीतां, पिंगली, सावज मारप , धालांची निमणी रात, धालांचो मांड हांचो आस्पाव आशि ल्लो हो उत्सव सुवातांनी मनायलो जाल्यार काय कडेन मनोवप चालू आसा .

Rajesh 65

लोककला लोकवेध  आनी लोकगीता तशेच लोकांनाच हांचे संवर्धन करप  ही काळाची गरज आसा. तारणात्यांनी हे दायज मुखार व्हरपा खातीर  मुखार सरपची गरज आसा अशे मत मुखेल मंत्री  प्रमोद सावंत हाणी उक्तायला. म्हावलांगड़ साखळी हांगा नगर सेवक दयानंद बोरयेकार हांच्या फुडारपणाखाला  श्री तोणमेश्वर चव्हाटा  मंदिरान सुरु केल्या रोमरामेळ पथकाच्या उक्तावण सुवाळ्यात मुखेल मंत्री उलयताले. तांचे  वांगडा मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट, नगरसेवक दयानंद बोर्येकर हजर आशिल्ले

Rajesh 65

आदले सभापती सर्गेस्त  अनंत विष्णू शेट यादस्तिक मये मतदारसंघ मर्यादित बालक्रीडा मेळावो  व्हडा  उमेदीन मनयलो  मुखेल सोयरे म्हण राज्यसभा खासदार  सदानंद शेट तानवडे हजर आशिल्ले.त्यांचे वांगडा आमदार प्रेमेंद्र शेट, जिल्ला पंचायत वांगडी  महेश सावंत   हजर आशिल्ले. तानावडे हाणी सांगले की भुरग्यांच्या कलागुणांक वाव दिवपा खातीर दरेका गावात खेळामळ आसप गरजेचे आसा. केल या क्रीडा मेळाव्यात मये  मनदारसंघातल्या 22 शाळांतले  300 विद्‌यार्थी सहभागी जाले समृद्‌धी गणपुले हिणे कार्यावळीचे सूत्रसंचालन  केले

CBC 75

केंद्रीय संचारण ब्युरो गोंय हाणी आज पणजी बस स्टँडाचेर राष्ट्रीय युवा दिसा निमतान एक दीस युवा संवाद आनी जागृताय दीस घडोवन हाडली.

ह्या कार्यावळीचो भाग म्हूण वेगवेगळ्या पिरायेच्या गटां खातीर प्रस्नमाची सर्त आयोजीत केल्ली. विकसीत भारताचें सपन साकार करपा खातीर तरणाट्यां कडेन तांचे विचार आनी सुचोवण्यो विचारल्यो.

ह्या दीसभर चलपी कार्यावळींत जायत्या तरणाट्यांनी मुखार येवन #DevelopedIndia ह्या ध्येया कडेन आमच्या देशाच्या प्रवासाचेर आपले विचार मांडले.

तशेंच संदेश पातळावपाच्या हेतान सीबीसीन बस स्टँडाचेर फोटो बूथय उबारिल्लो

DIP 180

आदिवासी कल्याण खात्यावतीन अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्यक अर्थीक मजत दिवपा खातीर गगन भरारी शिक्षण येवजणेची अंमलबजावणी करतात. हे

येवजणेचो लाव घेवपा खातीर खात्यान अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्य कडल्यान 15 जानेवारी 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. हे येवजणे खाला अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यक जेवण आनी प्रवास खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. तशेंच अनुसूचीत जमातीतल्या दिव्यांग विद्यार्थ्यक खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. गोंय राज्यांतल्या अनुसूचीत जमाती समाजांतले विद्यार्थी जांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ पाच लाख रूपया परस चड ना आनी मान्यताप्राप्त संस्थेत मॅट्रीक उपरांतच्या अभ्यासक्रमात शिकतात, अशें नियमीत आनी पुर्ण वेळ विद्यार्थ्यी हे येवजणेचो लाव घेवपाक पात्र आसात.

हे येवजणे खाला डे-स्कॉलरां खातीर दिवपी अतिरिक्त देखभाल भत्तो 750/- रूपयां वयल्यान म्हयन्याक 900/- रूपया केला. हॉस्टेलांत रावपी विद्यार्थ्यांचो भत्तो 1,500/- रूपया वयल्यान म्हयन्याक 1,800/- रूपया केला आनी अतिरिक्त दिव्यांग भत्तो 750/- रूपया वयल्यान म्हयन्याक 900/- रूपया केला. 2024-2025 शालेय वर्सा खातीर अर्ज केल्ल्या सगल्यां पात्र

विद्यार्थ्यांक वाडिव भत्त्याचो फायदो मेळटलो. शालेय वर्सांत 10 म्हयन्यां खातीर शिश्यवृत्ती दितात.

येवजणे खातीरची पात्रताय, नेम, अटी आनी हेर म्हायती tribalwelfare.goa.gov.in/ चेर उपलब्ध आसा.